# खाजगी सुरक्षा एजन्सींनीं गृह खात्याकडेन नोंदणी करप आवश्यक

7 फेब्रुवारी 2025

गोंयांतल्या खाजगी सुरक्षा एजन्सींनीं खाजगी सुरक्षा एजन्सी (नियमन) कायदो 2005 खाला नोंदणी करप आवश्यक आसा. ते खातीर गोंयांत कार्यरत रावपाक इत्सुक आशिल्ल्या सगळ्यां खाजगी सुरक्षा एजन्सींनीं गृह खात्याच्या www.psara.gov.in ह्या पोर्टलाचेर ऑनलायन नोंदणी करपाक जाय. गृह खात्याकडेन नोंदणी करीनासतना गोंय राज्यांत कार्यरत आशिल्ल्या खाजगी सुरक्षा एजन्सींआड कारवाय जातली आनी 25,000/- रूपया दंड वा 1 वर्स बंदखण वा दोनीय शिक्षा जातली.

गोंय राज्यांतल्या सगळ्यां आस्थापनांनी फकत गृह खात्याकडेन नोंदणी केल्ल्याचो कायदेशीर परवानो आशिल्ल्या खाजगी सुरक्षा एजन्सीच्याच सुरक्षा रक्षकांची नेमणूक करची. नोंदणी केल्ल्या खाजगी सुरक्षा एजन्सींची यादी “Know your Agency” ह्या कॅप्शना खाला www.psara.gov.in पोर्टलाचेर पळोवची.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/130

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.